**बायलांच्या लिंगीक छळणूक प्रतिबंध कायद्याचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम**

ता. 17 सप्टेंबर 2022

व्ही. एम. साळगावकर कायदो महाविद्यालयान गोंय लोक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्था (GIPARD) आनी उच्च शिक्षण संचालनालय हांच्या जोड पालवान 'प्रोजेक्ट पॉश'- हो कामाच्या जागेर बायलांच्या लिंगीक छळणूक प्रतिबंधा संबंधित सर्वसमावेशक कायद्याचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम सुरू केला.

भागधारकांक खास करून नियुक्ती करपी आनी अंतर्गत कागाळ समितीचे अध्यक्ष/वांगड्यांक कायदो आनी कार्यपद्धती विशीं आवश्यक प्रशिक्षण दिवप हो POSH प्रकल्पाचो उद्देश आसा. POSH कायदो 2013 ची प्रभावी आनी अर्थपूर्ण अंमलबजावणी खातीर ह्या कार्यक्रमाचो फायदो जातलो. कार्यक्रमाच्या पयल्या टप्प्यात पणजी, मडगाव, म्हापसा, फोंडा आनी सांखळी हांगाच्या महाविद्यालयात प्रशिक्षण कार्यक्रम जातलो.

व्ही.एम.साळगावकर कायदो महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. शाबर अली हांच्या हस्तुकीं 8 सप्टेंबर 2022 दिसा ह्या प्रकल्पाचे उक्तावण जाले. 7 संस्थांच्या आयसी वांगड्याखातीर पयली कार्यशाळा जाली. प्रकल्प समन्वयक डॉ. एम.आर.के. प्रसाद, डॉ. संध्या राम आनी एड. ईमिदीयो पिन्हो हे कार्यक्रमाचे रिसोर्स पर्सन आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/547

--


Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji